**Panaji Regional Bulletin News 2nd October 2023-7.25 Am**

**GANDHI 60**

राष्ट्रपिता महात्मा गांधी यांच्या १५४ व्या जयंतीनिमित्त राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड यांनी गांधीजयंतीच्या पूर्वसंध्येक काल देशवासियांक शुभेच्छा दिल्या. महात्मा गांधींच्या सत्य आनी अहिंसा या आदर्शांनी संवसाराक एक नवो मार्ग दाखयलो अशें राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशांत म्हणला.

गांधी जयंतीच्या निमतान देशांतल्या लोकांक शुभेच्छा दितना, वसाहतवादी राजवटीआड भारताच्या स्वातंत्र्याच्या लढ्यांत महात्मा गांधीची सत्य आनी अहिंसा ही तत्वां मार्गदर्शक तत्वां ठरली अशें उपराष्ट्रपतीनी आपल्या संदेशांत म्हणलां.

**Divchal rajesh 70**

दरेकल्यान आपल्या सरभोंवतणचो तशेच भौशीक सुवातांनी सदांच स्वछता मोहीमी राबोवपाक जाय सरभोंवतणचो वाठार तशेच पर्यावर्णाचीय जातनाय घेत दरेकल्यान स्वछता अभियान राबायल्यार स्वछ भारत अभियानाचों खरो हेतू साकार जावपाक वेळ लाग अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगले

साखळी नागरपालिकें काळ सकाळी आयोजित केलल्या स्वछता हि सेवा मोहिमेक बावटो दाखयलें उपरांत ते उलयताले साखळी पालिकेचे नगरसेवक नगरसेविका आणि नागरिकांनी स्वछता मोहीम राबयली इतले माजगती डिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेच ड्रीवचल महालातल्या साखळी, डिवचलं आणि मये मतदारसंघाला वेग वेगळ्या पंचायतींनी, आपवावुरपी संस्था तशेच नागरिकांनी स्वछता मोहीम राबयली

**Verma 90**

फुडल्या वरसा जावपाच्या लोकसभा वैचणुकेचो तयारीचो एक भाग म्हण राज्याचे मुखेल वेचणूक अधिकारी रमेश वर्मा हाणी वेगवेगळ्या नोंदणीकृत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधी वांगडा चर्चा केली. लोकसभा वेंचणुकेची तारीख एप्रिलत आसूंक शकता अशी म्हावी म्हायती वर्मा हाणी दिली. २०१९ आंत वैचणूक सात टप्प्यांनि जाली. हेवेळार कीतल्या टप्प्यांनि घेवप ताचो अभ्यास सुरु आसा. हे चर्चेत विरोधी पक्षांच्या प्रतिनिधींनी वेगवेगळ्यो सुचवण्यो अधिकाऱ्या मुखार मांडल्यो. फाटले विधानसभा वेंचणुकेत पोस्टल मतदानावेल्यान जाल्ल्या घोळाचो मुददो आशिल्लो. तशेच मार्च म्हयन्यांत शिखगमों महोत्सव आसता. ताचो प्रभाव वेंचणूकेचेर पडूंक शकता हि गजाल मतीत घेवन ते प्रमाण केंद्रक संगचे अशी सुचोवणीय तांका दिली.

**clean-130**

PIB NCC केंद्रीय संचारण ब्युरो गोय, पीआयबी, एनसीसी, आनी पणजी सिटी कॉर्पोरेशन हाणी मेळून स्वच्छता ही सेवा मोहिमेत वांटो घेतलो. हे मोहिमेक लागून पणजी गोयांतल्या ला कम्पाला गार्डनांक विलक्षण परिवर्तन Amphitheatreak आयलें. अतिवृद्ध झाल्ल्या ॲम्फीथिएटरक आनी ताच्या भोंवतणच्या वाठाराक नवी जीण मेळ्ळ्या जो रानटी वनस्पतींनी भरिल्लो.

एक तारीख एक घंटा एक साथ या आवाहनाला प्रतिसाद म्हणून केंद्रीय दळणवळण ब्युरो (CBC) आणि प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो (PIB) च्या गोवा क्षेत्रीय कार्यालयांनी ) 1 गोवा बटालियन नॅशनल कॅडेट कॉर्प्स (NCC) आणि कॉर्पोरेशन ऑफ सिटी ऑफ पणजी (CCP) हांच्या सहकार्यान पणजेच्या ला कम्पला गार्डनांत स्वच्छता ही सेवा मोहिमेकै एक भाग म्हूण निर्धार स्वच्छता मोहीम सुरू केली. पणजी शार म्हामंडळाचे आयुक्त क्लेन मदेरा आनी गोवा बटालियन एनसीसी पणजीचे कमांडिंग ऑफिसर कर्नल एम के एस राठौर मुखेल सोयरें म्हूण हाजीर आशिल्ले

उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना कर्नल एम के एस राठौर हांणी एक म्हत्वाचो संदेश दिलो, स्वच्छता मोहीम स्वच्छतेचा फक्त एक पैलू दर्शयत जबाबदारी आणि टिकाव हे महत्त्वाचे धडे जे सगळ्यांनी आत्मसात क पडटले आनी कचरो कमी करपी जिणे जीवनशैलीकडे संक्रमण निर्मिती आणि पर्यावरणीय प्रदूषण कमी करप अत्यावश्यक आसा अशे" म्हणले.

**मडगाव स्वच्छता 55**

फाल स्वच्छता ही सेवा या उपक्रमाअंतर्गत आज दक्षिण गोय जिल्हा पंचायत वांगड्याजी मडगाव नगरपालिका उद्यान आनी एसजीपीडीए मार्केट वाठाराची नितळसाण केली. जिल्हा पंचायत अध्यक्ष सुवर्णा तेंडुलकर हाणी हे मोहिमेक सुरवात केली.

मडगाव वाठारांतल्या वेगवेगळ्या शाळांनी अशी नितळसाण मोहीम राबयली. कोकण रेल्वे स्टेशनारय साफ सफाई केली.

दक्षिण गोयांत केपे, कुडचडे, काणकोण सांगे या वाठारांतय हे अभियान केले.